**म्हायती हक्क कायदो तत्परता आनी पारदर्शकतेक प्रोत्साहन दिता- मुख्य म्हायती आयुक्त**

ता. 12 ऑक्टोबर 2023

प्रत्येक भौशीक अधिकारीणीचे कर्तव्य आनी कामात तत्परता, जापसालदारकी आनी पारदर्शकता हाडपाच्या उद्देशान अंमलबजावणी केल्लो म्हायती हक्क कायदो 2005 हो एक नेम जाल्लो आसा आनी गोपनीयता हो एक अपवाद जावन आसा, अशें राज्य मुख्य म्हायती आयुक्त एड. विश्वास आर. सतरकर हांणी सांगलें. गोंय राज्य म्हायती आयोगान एस.एस. धेंपो वाणिज्य आनी अर्थशास्त्र म्हाविद्यालय, कुजीरा बांबोळी हांच्या जोड पालवान आयोजीत म्हायती हक्क कायदो दीस कार्यक्रमाचें मुखेल सोयरे म्हूण ते आयज उलयताले.

इतिहासाचो उगडास करतना विश्वास सतरकर हांणी सांगलें, भारतात ब्रिटिशांच्या परकीय राजवटीच्या काळात अधिकृत गोपनीयता कायदो 1923 अमलात आशिल्लो तेन्ना गोपनीयता हो एक नेम आशिल्लो. ब्रिटिशांच्या परकीय राजवटीच्या काळात भारतात पारदर्शकता आनी तत्परता नाशिल्ली, अशें तांणी सांगलें.

लोकांनी उचलून धरिल्ली मागणी आनी अण्णा हजारे सारख्या कार्यकर्त्यांच्या प्रयत्नांक लागून 2005 वर्सा म्हायती हक्क कायद्याची अंमलबजावणी करपाची वाट मेकळी जाली. म्हायती हक्क कायदो हे एक प्रभावी शस्त्र जावन आसा आनी नागरिकांक लोकशाय प्रक्रियेत सहभागी जावपाक आनी प्रशासनात तत्परता आनी पारदर्शकता येवपाक मजत जाल्या, अशें तांणी सांगलें.

राज्य म्हायती आयुक्त श्री. संजय ढवळीकर हांणी म्हायती हक्क कायद्यो सगळ्यां केंद्र आनी राज्य सरकारचे विभाग, मंत्रालयां, भौशीक कार्यालयां, सरकारी निधी घेवपी संस्था आनी भौशीक आस्थांपनाक लागू आशिल्ल्याचें सांगून ह्या कायद्याखाला म्हायती मागपाच्या पद्दतीविशीं म्हायती सांगली. प्रत्येक विभागात भौशीक म्हायती अधिकारी आसा आनी तो म्हायती हक्क कायद्याखाला मागिल्ली म्हायती दिवपाक जबाबदार आसा. भौशीक म्हायती अधिकाऱ्यान दिल्ली म्हायती अचूक आनी योग्य नासल्यार वा मुजतीच्या काळाभितर दिली ना जाल्यार अपील करपाक शकतात. पुण,देशाची सुरक्षा वा खाजगी म्हायती गुपीत दवरपाची कायद्यात तजवीज आसा, अशीं म्हायती तांणी दिली.

एस.एस. धेंपो वाणिज्य आनी अर्थशास्त्र म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. मनोज कामत हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले. व्ही. एम. साळगांवकर कायदो म्हाविद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांनी ह्या वेळार म्हायती हक्क कायद्यो जागृतायेचेर रस्तो नाट्य सादर केले.

सहाय्यक प्रो. श्रीमती सायली शेणॉय हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/796

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity, Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor, Near Azad Maidan, Panaji – Goa.